# नागरी सेवा खेळां पंगड  निवड चाचणी

ता. 25 फेब्रुवारी 2022

अखिल भारत नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळां मंडळ आनी एनसीटी, नवी दिल्ली हांच्या जोड पालवान 10 ते 17 मार्च 2022 मेरेन छात्रसाल स्टेडिएम, भरत नगर खेळा प्रकल्प, गृहकल्याण केंद्र, नवी दिल्ली हांगा कॅरम, फुटबॉल आनी क्रिकेट खेळां प्रकारात अखिल भारत नागरी सेवा सर्तींचे आयोजन करपात येतले.

ह्या खेळां सर्तींनी गोंय राज्याचे प्रतिनिधीत्व करपाक  पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार खात्यान ता. 2 आनी 3 मार्च  2022 दिसा निवड चाचणी आयोजीत केल्या. फुटबॉल निवड चाचणी  टर्फ फुटबॉल मैदान आनी क्रिकेट निवड चाचणी उकतो खेळा प्रकल्प, पं. जवाहरलाल नेहरू स्टेडिएम, फातोर्डा मडगांव हांगा 2 आनी 3 मार्च दिसा  आनी कॅरम निवड चाचणी 2 मार्च 2022 दिसा युथ हॉस्टेल, मिरामार हांगा सकाळी 9.30 वरांसावन आयोजीत केल्या.

सरकारी खात्यांचे नियमीत कर्मचारी आशिल्ल्या इत्सुक खेळगड्यांनी खात्याच्या मुखेल्यान सय केल्ले वळखपत्र आनी खेळपाच्या सामानासयत सकाळी 9.30 वरांचेर निवड चाचणेच्या थळार एपीईओ श्री. दिनेश देसाय हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/138

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji